प्रादेशिक खबरो

१७.०२.२०२६ @ ७.२५ AM

प्रसाद/रश्मी 70

फोंडाच्या खेळां संकुलाक सरगेस्त मंत्री रवी नायक हाचे नाव दिले. ह्या खेळां संकुलाक रवी नायक खेळां संकुल म्हणून वळखतले अशी म्हायती नांव दिवपाच्या सुवाळ्या उपरांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. . फोंडाचो खेळां संकुल ताच्या दूर दृश्टीकोनाक लागून उभो रावला. अशे ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें.byte NAMING

ह्या वेळार उलयतना खेळां मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणलें, मंत्री रवी नायक हांचो वावर व्हड आसा आनी ताचो दरेक धाडसी निर्णय लोकांच्या मनांत सदांच याद उरतलो अशे म्हणले

रश्मी 40

पणजी शार म्हानगरपालीकेच्या 30 वॉर्डांखातीर 11 मार्चक वेंचणुक जातली अशें राज्य वेंचणूक आयोगान जाहीर केलां. जाल्यार 13 मार्चाक मत मेजणी बांबोळे श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियम हांगा जातली गोंयची वेंचणूक वळेरी 21 फेब्रुवारीक जाहीर जातली अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयुक्त मिनिनो डीसौझा हांणी दील्या.byte CCP

प्रसाद/रश्मी 180

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांनी आज “हर घर उद्यम, हर गांव समरूध्द” मोहीम आनी पीएम सूर्य घर जागृताय कार्यावळ फोंडा हांगच्या राजीव गांधी कला मंदिरात सुरू केली. एकदा सोलर पॅनला बसयली कांय ही पॅनला फुडल्या ३० वर्सा सौर उर्जा दिवन सच्यचा वापराखातीर लागपी विजेची पुरवण दिंवक शकता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ही पॅनला बसोवपाक केंद्र तशेचं राज्य सरकाराच्या येवजण्यावरवी विशेश सवलत मेळटा. तशेंच काय प्रमाणात जो खर्च पॅनल बरोवपी नागरीकांक येता तो चार ते पाच वर्साभितर भरुन येता अशे तांणी म्हळा. Byte- cm on BUDGETआयज बायलो दर एका मळार फुडाकार घेतात आनी आप मजत गटां वरवीं फकत शेतकी मळार न्हय तर दरेक मळार आत्मनिर्भर जावंक शकतात आनी हे खातीर सरकारान मुख्यमंत्री महिला लखपती निधी योजना येवजण सुरू केल्या अशे सांगले.Byte कार. ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी हरित उर्जा ही चळवळ म्हूण आपणावन तातूंत आपलो वांटो दाखोवचो अशें सगळ्यांक आवाहन केलें. देशभरांतल्या सुमार एक कोटी घरांनी हरित सौरउर्जा प्रकल्प सुरू करपाचो केंद्र सरकाराचो हेत आसा अशें सांगून तातूंत गोंय राज्यान व्हडली भुमिका घेवची अशें आवाहन केलें. पर्यावरणाची राखण करपा खातीर हें पावल खूब म्हत्वाचें अशेंय तांणी सांगलें.

रश्मी 40

राज्य वेंचणूक आयोगान गोंयभरांतल्या 7 म्हालातल्या वेगवेगळ्या पंचायतीच्या 14 प्रभागांखातीर पोट -वेंचणुको जाहीर केल्यात. मतदान 8 मार्चाक जातलें, जाल्यार 9 मार्चाक मतां मेजप आनी निकाल जाहीर करतले .

गणेश 90

सांताक्रुज बोंडवेल तळ्याच्या 200 मीटर वाठारात कसल्याय प्रकारच्या बांदकामाक परवाने दिवचे न्हंय, अशें निर्देश नगरनियोजन खात्याक दिल्या. हे विशीचो निर्णय नगरनियोजन मंडळाच्या बसकेत जातलो. बोंडवेल तळ्याचो बफर झोन निश्चित करपाची जापसालदारी पाणथळ प्राधिकरणाची आसा, अशें नगरनियोजन मंत्री विश्वजित राणे हांणी स्पश्ट केलां. बोंडवेल तळ्याच्या वाठारात बांदकामांक मान्यताय दिवची न्हंय, अशी मागणी सांताक्रुज ग्रामस्थांनी केल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हांव एक आसून चर्चा करून निर्णय घेतात, अशें राणे तांणी पत्रकार परिशदेत सांगलें.

स्पोर्ट्स 35

गोयचो खडेगाठ खेळा पगड चर्चिल ब्रदरस २०२५ -२६  अंदु इंडिअन फुटबॉल लीग सरतीत आस्चो ना. धा पगडा मदी गोयचो फक्त धेंपो स्पोर्ट्स क्लब आसा.

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  34.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 20.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.